आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या
राष्ट्रीय खबरा

1st August 2025 सकाळी – 8.40

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां वाराणसीक भेट दिवन, सुमार 2 हजार 200 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.

- एलान मस्कच्या फुडारपणा खाला, स्टार-लिंकाक भारतांत उपगिरो इंटरनॅट सेवा सुरू करपाचो परवानो मेळ्ळा.

- बँकींग क्षेत्रांतले प्रशासन सुदारपाखातीर आनी गुंतवणूकदार आनी ठेवीदारांचे संरक्षण सुनिश्चीत करपाखातीर, बँकींग दुरुस्ती कायदो 2025 आयज सावन लागू जाता.

- लंडनातल्या केनिंगटन ओवलात काल, भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी पाचव्या आनी निमण्या कस लावपी क्रिकेट खेळाक, सुरुवात जाली.

पीएम किसान - 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां आपल्या संसदीय मतदारसंघ वाराणसीक भेट दिवन, सुमार 2 हजार 200 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घालतले आनी उक्तावण करतले. ह्या निमतान प्रधानमंत्री मोदी भौशीक मेळाव्याकय, संबोधन करतले. शेतकार कल्याणा खातीर एक म्हत्वाचो पावल म्हूण, प्रधानमंत्री वाराणसींतल्यान पीएम-किसानाचो 20वो हप्तो जारी करतले. जातूंत 20 हज्जार 500 कोटी वयर पयशे, थेट देशभरांतल्या 9.7 कोटी परस चड शेतकारांच्या बँक खात्यांत हस्तांतरीत जातले.

ज्योतिरादित्य सिंधिया - 70

एलान मस्कच्या फुडारपणा खाला, स्टार-लिंकाक भारतांत उपग्रह इंटरनॅट सेवा सुरू करपाचो परवानो मेळ्ळा, अशें केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत मोबायल टेलिफोनीच्या, 30 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान मोबायल कॉन्क्लेवाक संबोधीत करतना, मंत्री सिंधिया हांणी, फाटल्या 11 वर्सांतलो भारताचो डिजिटल प्रवास असामान्य आसा, अशें स्पश्ट केलें. फाटल्या दशकांत पयसुल्ल्या गांवांतल्यान मेट्रो शारांनी डिजिटल प्रवेशाक लागून नागरिक सशक्त जाल्यात. भारत परवडपी आनी समावेशक तंत्रगिन्यानाच्या मळार, संवसारीक फुडारी जाला, अशेंय तांणी सांगलें.

बँकींग कायदो दुरुस्ती कायदो -

बँकींग क्षेत्रांतले प्रशासन सुदारपाखातीर आनी गुंतवणूकदार आनी ठेवीदारांचे संरक्षण सुनिश्चीत करपाखातीर, बँकींग दुरुस्ती कायदो 2025 आयज सावन लागू जाता. अंदूं 15 एप्रीलाक अधिसुचीत केल्ल्या ह्या कायद्याचो हेत, भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांचो ऑडिट दर्जो वाडोवप आनी सहकारी बँकांतले अध्यक्ष आनी पूर्णवेळ संचालक सोडल्यार, निदेशकांचो कार्यकाळ वाडोवपाचो आसा, अशें अर्थ मंत्रालयान सांगलां.

राष्ट्रपती झारखंड -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज झारखंडाक, दोन दिसांच्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा, इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी - इंडियन स्कूल ऑफ मायन्सच्या 45व्या दीक्षांत सुवाळ्यात वाटेकर जातल्यो. अटल इनोव्हेशन सेंटरांत स्थापन केल्ल्या, आदिवासी बायलांच्या कम्युनिटी इनोव्हेशनावेले प्रदर्शन, राष्ट्रपती पळयतल्यो. दीक्षांत सुवाळ्यांत प्रधानमंत्र्यांचे प्रधान सचिव पी.के. मिश्रा हांकां त्यो, डीएससी पदवी दिवन, तांचो भोवमान करतल्यो. तशेंच

राष्ट्रपती 20 गुणवंत विद्यार्थ्यांक भांगरा पदकां दितल्यो. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांचे वांगडा, झारखंडाचे उच्च शिक्षण मंत्री सुदिव्य कुमार हेवुय ह्या वेळार, हाजीर आसतले.

मंत्रीमंडळ - 120

केंद्रीय मंत्रीमंडळान पंदराव्या अर्थ आयोगा मजगती, चालू आशिल्ल्या केंद्रीय क्षेत्र येवजणेच्या "प्रधानमंत्री किसान संपदा येवजणेच्या" विस्तारा खातीर 1 हजार 920 कोटी रुपया अतिरिक्त खर्चा सयत, वट्ट 6 हजार 520 कोटी रुपया खर्चाक, मान्यताय दिल्या. केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या ह्या निर्णया विशीं म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल, नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना, ही घोशणा केली. वैष्णव हांणी सांगलें, मंत्रीमंडळान  2025-26 ते 2028-29 मेरेन, चार वर्सां खातीर, दोन हजार कोटी रुपया खर्च करून, “राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळ' या केंद्रीय क्षेत्र येवजणेकय मजत करपाक मान्यताय दिल्या.

मजगती, अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, बिहार, ओडिशा, झारखंड राज्यांतल्या, 13 जिल्ह्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या चार मल्टीट्रॅकिंग रेल्वे प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. प्रकल्पांचो वट्ट अदमासीत खर्च 11 हजार 169 कोटी आसा आनी 2028-29 मेरेन तो पुराय जातलो.

वेंचणूक आयोग  -

इलॅक्ट्रॉनीक मतदान मशीन, ईव्हीएम हे टॅम्पर प्रूफ आसात आनी ताचेकडेन छेडछाड करप शक्य ना, अशें वेंचणूक आयोगान परतून स्पष्ट केला. फाटल्या वर्सा जाल्ले महाराष्ट्र विधानसभा वेंचणुके वेळार, व्हीव्हीपीएटी स्लिप मेजपाक कसलोच फरक मेळूंक ना, अशें तातूंत म्हणलां. 10 उमेदवारांकडल्यान मेळिल्ल्या अर्जांचेर आदारून, 10 विधानसभा मतदारसंघांनी ईव्हीएमची तपासणी आनी सत्यापन केल्ल्याची म्हायती, मतदान मंडळान दिल्या. सगल्या प्रकरणांत मशिनीच्यो, निदानात्मक चांचण्यो पास जाल्यो, अशेंय ताणें सांगलां. 10 विधानसभा मतदारसंघांतल्या 48 मतपत्रिका युनिट, 31 नियंत्रण युनिट, आनी 31 व्हीव्हीपीएटीची तपासणी आनी सत्यापन हे  8 अर्जदारांच्या हाजिरेंत येसस्वीपणान जालें.

वैष्णव - 20

काल जाल्ले मंत्रिमंडळाच्या बसकेत, महत्वाचे 6 निर्णय जाले. कृषी संपदा हे येवजणे विशी रेलवेमंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगले, कि

फॅक्ट चेक युनिट - ८०

अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केल्ल्या २५ टक्के कर आकारणेक लागून ६० अब्ज डॉलर्सची बाजारपेठ बुडल्या, आनी ताकालागून भारतात आर्थिक आणीबाणी जाहीर केल्या, असो पाकिस्तानी प्रचार खात्यान केल्लो दावो सरकारने फटीचो थारायला. प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या फॅक्ट चेक युनिटान हे दावे फटीचे आशिल्ल्याचे म्हळा आनी भारतात कसलीच आर्थिक आणीबाणी जाहीर करूंक ना हाचेर भर दिलो. ना/हाचेर 'फॅक्ट चेक युनिटान नागरिकांक सतर्क रावपाचेय आवाहन केले. तशेच रुच निंबून रावचे रावचे असो सत्यापित माहितीखातीर फकत अधिकृत स्रोतांचेरुच सल्लो तांणी दिला.

बिहार मतदार वळेरी – १००

बिहारात सुधारीत मतदार वळेरी प्रसिद्ध जाल्याउपरांत आयजसावन दावे आनी हरकती स्वीकारतले. हेखातीर ९० हजार बीएलओ म्हळयार बूथ लेव्हल ऑफिसर लेगित नेमलेल्यात . बिहारातल्या सगळ्या २४३ विधानसभा मतदारसंघांमदले वेचणूक नोंदणी अधिकारी राजकी पक्ष आनी मतदारांकडच्यान दावे आनी हरकती स्वीकारतले. मतदारां संबंधित कागाळीं सुटाव्यो करपाखातीर खासा शिबिरांचे लेगित आयोजन करतले. प्राथमिक मतदार वळेरी वा सुधारीत वळेरे संबंधित कागाळीं सुटाव्यो करपाखातीर दावे आनी हरकती ही प्राथमिक यंत्रणा आसा. ही

प्रक्रिया फुडल्या म्हयन्याच्या १ तारखेमेरेन सुरू आसतली. दावे आनी हरकतींकडेन संबंधित अर्जांची पडताळणी २५ सप्टेंबरमेरेन जातली. त्याउपरांत, ३० सप्टेंबराक निमणी मतदार वळेरी उजवाडाक हाडटले. राज्यातल्यो फुडल्यो विधानसभा वेचणूको हे निमण्या वळेरेच्या आधाराचेर घेतले.

क्रिकेट – ९0

लंडनातल्या केनिंगटन ओवलात काल भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी पाचव्या आनी निमण्या कस लावपी क्रिकेट खेळाक सुरुवात जाली. इंग्लंड पंगडान कुरु बावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. भारताच्या डावाची सुरुवात बरी जावंक ना. पूण करुण नायरान बेसबरो खेळ केलो. तो ५२ धावंड्यांचेर नाबाद आस. साई सुदर्शनान ३८ धावंड्यो केल्यो. काल पयल्या दिसाचो खेळ सोपलो तेन्ना भारतान 6 बाद 204 धावंड्यो केल्ल्यो. इंग्लंडच्या गस ॲटकिन्सन आनी जोश टँग हांणी दरेकी दोन गडे बाद केले. पावसाक लागून हे खेळात दोन फावट आडखळ आयली. इंग्लंड पंगडान हे खेळामाळेत २-१ अशी आघाडी घेतल्या.

हवामान - 160

नैऋत्य मोसमी पावसाच्या दुसऱ्या अर्दांत, देशभरांतल्या दीर्घ काळांतल्या सरासरीच्या, 106 टक्क्यां परस चड पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. ऑगस्ट ते सप्टेंबर मेरेन भारतांतल्या चडशा वाठारांनी सामान्य ते सामान्या परस चड, पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीचे महासंचालक एम मोहपात्रा हांणी सांगलें. पूण ईशान्य आनी लागसारच्या उदेंत वाठारांनी, मध्य भारतांतल्या कांय एकसुऱ्या वाठारांनी सामान्या परस कमी पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें तांणी सांगलें. तशेंच देशभरांतल्या 7,200 प्रशासकीय ब्लॉकांक आस्पावपी ब्लॉक पातळेचेर, पावसाचेर नियंत्रण दवरपाची घोशणा आयएमडीन केल्या. मोहपात्रा हांणी सांगलें, पयलीं आयएमडी जिल्हो पातळेचेर पावसाची म्हायती दिताली, पूण आतां ब्लॉक पावड्यार, पावसाचे नियंत्रण दवरतले. वाडिल्ल्या निरिक्षण क्षमतेक, पावस मापकांत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्ल्यान, आदार मेळ्ळा. 2015 वर्सा 3 हजार 980 आशिल्ले ते 2025 वर्सा 6 हजार 727 जाल्यात. मजगती, आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना आयएमडीचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ आरके जेनामानी हांणी सांगलें कि , फुडल्या काय दिसांनी ईशान्य वाठारात पावस चड खर जावपाची शक्यताय आसा, जाल्यार आयज सावन राजस्थान आनी मध्य प्रदेशात, पावस खूब उणो जातलो.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां वाराणसीक भेट दिवन, सुमार 2 हजार 200 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचो शुभारंभ करतले.

- एलान मस्कच्या फुडारपणा खाला, स्टार-लिंकाक भारतांत उपगिरो इंटरनॅट सेवा सुरू करपाचो परवानो मेळ्ळा.

- बँकींग क्षेत्रांतले प्रशासन सुदारपाखातीर आनी गुंतवणूकदार आनी ठेवीदारांचे संरक्षण सुनिश्चीत करपाखातीर, बँकींग दुरुस्ती कायदो 2025 आयज सावन लागू जाता.

- लंडनातल्या केनिंगटन ओवलात काल, भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी पाचव्या आनी निमण्या कस लावपी क्रिकेट खेळाक, सुरुवात जाली.